**राष्ट्रीय सेवा येवजणेत सहभागी जावपाक विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहन दिवपाची गरज- श्री. गावडे**

ता. 11 जुलय 2024

उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालय पांवड्यावयल्या विद्यार्थ्यांक राष्ट्रीय सेवा येवजणेत सहभागी जावपाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज आसा, जेणे करून हे विद्यार्थी आपल्या व्यक्तिमत्वाचो विकास घडोवपा वांगडाच देशाच्या विकासाक योगदान दिवपाक शकतले, अशें खेळा मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी काल बांबोळी हांगाच्या गोंय खेळा प्राधिकरणाच्या मैदानाचेर आयोजीत राष्ट्रीय सेवा येवजण राज्य सल्लागार समितीच्या बसकेत उलयतना सांगले.

खेळा मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ल्या बसकेत महाविद्यालयां आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी राष्ट्रीय सेवा येवजणेची (एनएसएस) योग्य तरेन अंमलबजावणी करपा संदर्भात साबार गजालींचेर चर्चा जाली. श्री. गावडे हांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक 8 वी आनी 9 वेच्या विद्यार्थ्या खातीर राष्ट्रीय सेवा येवजण लागू करपाविशीं अभ्यास करपाचो सल्लो दिलो. राष्ट्रीय सेवा येवजणेक लागून विद्यार्थ्यांमदीं समाज सेवेविशीं आवड निमार्ण जातली आनी तांच्यामदीं वेगवेगळी कुशळटाय वाडिक लागतली, अशेंय तांणी सांगलें.

राष्ट्रीय सेवा येवजणेत विद्यार्थ्यांची संख्या वाडोवन आनी आवश्यक उपाय करून राज्यांत येवजण मजबूत करपाचो निर्णय बसकेत घेतलो.

खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री. अरविंद खुटकर हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्या सल्लागार समितीच्या वांगड्यांक येवकार दिलो एनएसएस कार्यक्रमांची म्हायती दिली.

बसकेक महाराष्ट्र आनी गोंय एनएसएस विभागाचे विभागीय संचालक श्री. अजय शिंदे, शिक्षण संचालक श्री. शैलेश जिंगडे, उच्च शिक्षण खात्याचे अतिरिक्त संचालक प्रो. जेर्वासियो मेंडिस, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे जोड संचालक श्री. गणराज मोरजकर, उच्च माध्यमिक प्राचार्य मंचाचे उपाध्यक्ष श्री. प्रशांत नाईक, नेहरू युवा केंद्राचे उपसंचालक श्री. कालिदास घाटवळ आनी गोंय विद्यापिठाचे एनएसएस समन्वयक डॉ. नितीन सावंत हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/304

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.